Akashwani Panaji National news

8.40 am 9th March 2026

pm

काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी सुमार 33 हजार 500 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्यादी फातर बसयले. ह्या वेळार राष्ट्रीय राजधानींतली सुविधा आनी मुळावी बांदावळ घटमूट करता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. ह्या प्रकल्पांक लागून मुळावी बांदावळ घटमूट जातली, जोडणी सुदारतली आनी शारांतल्या लोकांची सुलाभताय वाडटली अशें तांणी सांगलें. काल सुरू जाल्ल्या नव्या मेट्रो विभागाक लागून राजधानींतल्या लाखांनी लोकांक म्हत्वाचो फायदो जातलो अशें म्हणला

President

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या भेटी वेळार शिष्टाचार सांबाळूंक नाशिल्ल्यान आनी काल राज्यांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय संताल परिशदेची सुवात अचकीत बदलिल्ल्यान अस्तंत बंगालांतल्या टीएमसी सरकाराचेर भाजपान टिका केल्या.बायलांक संद आनी आदार दिलो जाल्यार तांकां दरेका मळार उत्कृश्टताय मेळूंक शकता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणला उद्देजकताय आसूं वा सामुदायिक जग आसूं, सगळ्या मळार बायलांनी फुडाकार घेतला. भारत बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगती कडेन नेटान मुखर सरता आनी कामगार बळग्यांत बायलांचो वांटो वाडला अशे तानी नद्रेक हाडले. बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ, पीएम मुद्रा येवजण, मिशन शक्ती ह्या येवजण्यांनी बायलांचें सशक्तीकरण जालां अशें नवी दिल्लींत आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या कार्यावलीत उलायताना राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी उक्तायले

Pm 168

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वरवीं "सबका साथ सबका विकास- ह्या विशयाचेर अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत उलोवप करतले. ह्या विशयांतल्यान शिक्षण आनी कुशळटाय, भलायकी आनी आयुश, पर्यटन आनी हेर क्षेत्रां सयत जायतीं सत्रा घडोवन हाडटले. शिक्षण-रोजगार मार्ग घटमूट करप, एनिमेशन, व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमिंग, आनी कॉमिक्स , ईशान्य वाठारांतले बौध्द सुवाती आनी पर्यटन प्रसार अशे उपक्रम ह्या चर्चांनी उल्लेख आसतले.

86 parliament

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो पांवडो आयज सुरू जातलो आनी फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखे मेरेन चालू आसतलेलो . सभापती ओम बिर्ला हांका तांच्या हुद्द्या वेल्यान काडपाची मागणी करपी थाराव लोकसभेंत आयज घेवपाची आसा. हो थराव मोहम्मद जावेद, के सुरेश आनी मल्लू रवी हे तीन काँग्रेसीचे वांगडी मांडटले. तशेंच विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर लोकसभेंत अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती विशीं निवेदन दिवपाचे आसात. राज्यसभेंत आसतना पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयाच्या वावराचेर चर्चा सभाघराच्या वेवसायांत नोंद जाल्या.

145 sports

युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालय आयज दिल्लींत विकसित भारत युवा कनॅक्ट कार्यावळीच्या दुसऱ्या पांवड्याची सुरवात करतले. विकसित भारत 2047 साच्या दृश्टीकोनान तरणाट्यांची संलग्नताय घटमूट करपा खातीर मेरा युवा भारत, माय भारता वरवीं हो उपक्रम आयोजीत केला.राष्ट्रीय राजधानींतल्या 35 वयर म्हाविद्यालयांतल्यान 10 हजारां परस चड विद्यार्थ्यांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेवपाची अपेक्षा आसा अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या. तरणाट्या नागरिकांक भारताच्या उदरगत प्रवासाक जोडपा खातीर, जबाबदार राष्ट्र निर्माते म्हूण तांच्या भुमिकेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर परस्पर संवादात्मक

सत्रां, संवाद आनी संलग्नताय कार्यावळी घडोवन हाडटले. विकसित भारत तरणाटे फुडारी संवादांतले सादरक आनी विकसित भारत युवा संसदेचे विजेते सयत युथ आयकॉन विद्यार्थ्यां कडेनय संवाद सादतले आनी राष्ट्र निर्मितींत तरणाट्यांक चड वांटो घेवपाक प्रेरणा दिवन तांचे अणभव सांगतले. हो उपक्रम पयलींच 22 राज्यांनी आनी संघराज्यांतल्या 274 विद्यापिठांनी आनी म्हाविद्यालयांनी पावला आनी आतां मेरेन सुमार 20 हजार तरणाट्यांक एकठांय हाडल्यात. my भारत डिजिटल प्लॅटफॉर्मा वरवीं नोंदणी आनी कार्यावळींत वांटो घेवपाची सुवीधा सुरू आसा.

war 52

अमेरिकेच्या आनी इझ्राएलाच्या फुडारपणा खाला ऑपरेशन Epic Fury धाव्या दिसाचेर पावला तेन्ना इराणान नव्या सर्वोच्च फुडारीची नेमणूक केल्या.अमेरिकेच्या आनी इझ्राएलाच्या हल्ल्याच्या पयल्या ल्हारां वेळार तेहरानांत मरण आयिल्ल्या आयातल्ला अली खामेनी उपरांत तांचो पूत मोजताबा खामेनी त्यांचा सुवातेर येतलो अशें राज्य माध्यमांनी सांगलां. इझ्राएलान पयलींच शिटकावणी दिवन खंयच्याय उत्तराधिकाऱ्याक लक्ष्य करतले अशें सांगलां.

Oil 100

इराण झुजाक लागून मध्य उदेंतांतल्या उत्पादन आनी जहाज येरादारींत आडमेळीं आयिल्ल्यान साडेतीन वर्सां परस चड काळांत पयलेच खेपे तेलाचे दर बॅरलाक शंबर अमेरिकी डॉलर हुंपला . आंतरराष्ट्रीय मानक आशिल्ल्या ब्रेंट कच्च्या तेलाच्या बॅरलाचें मोल, काल 101.19 डॉलर आशिल्ले , जें शुक्रारा 92.69 डॉलराच्या दरापरस 9.2 टक्क्यांनी वाडलें. इराणी क्षेपणास्त्र आनी ड्रोन हल्ल्याच्या भंयाक लागून होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान टँकरांची येरादारी थांबयल्या. साउदी अरेबिया, कुवेत, इराक, कतार, बहरीन, संयुक्त अरब अमीरात आनी इराण ह्या देशांतल्यान तेल आनी वायू निर्यात करपाखातीर

हो सामुद्रधुनी म्हत्वाचो मार्ग आसा. इराणी आखातांतल्यान तेल आनी वायूच्या उत्पादन आनी हालचाली खातीर म्हत्वाच्या देशांक आनी सुवार्तीनी झुजाक लागून तेलाचे दर वाडल्यात.

Telangana 95

काल राजभवन, हैदराबादचे अधिकारी आनी कर्मचारी तेलंगणाचे राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा हांकां नमलायेन निरोप दिलो . कृतज्ञताय आनी यादींनी लोकभवनांत निरोप सुवाळो जालो. राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा हांणी लोकभवनाच्या दरेका अधिकाऱ्याक आनी कर्मचाऱ्यांक व्यक्तिगत रितीन मेळपाक वेळ दिलो. तेलंगणाचे राज्यपाल म्हणून आपल्या पुराय काळांत तांणी केल्ल्या समर्पणाची, कश्टाची आनी सहकार्याचो उल्लेख केलो . नम्र भावनांनी तांणी आपलो कार्यकाळ याद उरपा सारको केल्ल्या खातीर पुराय पंगडाचे उपकार मानले. कर्मचाऱ्यांनी परतून राज्यपालाक आपलो खोलायेन आदर उक्तायलो, तांणी आपल्या पदाचेर आशिल्ल्या सकारात्मक परिणामाचेर विचार केलो. जिष्णू देव वर्मा रोखडेंच महाराष्ट्राचो राज्यपाल म्हूण आपली नवी जापसालदारकी सम्बाल्तले

War 130

अमेरिकेच्या संरक्षण खात्यान , अमेरिकेच्या सातव्या सेवेच्या वांगड्याक इराणा कडेन जाल्ल्या झुजांत मरण आयलां अशे कळयला . सोशल मिडियाचेर दिल्ल्या निवेदनांत अमेरिकेच्या सेंट्रल कमांडान , अमेरिकेच्या सेवेच्या वांगड्याक काल रातीं मध्य उदेंतभर इराणी राजवटीच्या सुरवातीच्या हल्ल्या वेळार जाल्ल्या जखमींक लागून मरण आयले अशे सांगला . मजगतीं, इराणी क्रांतीकारी गार्ड कोर्प हवाई दळाच्या मुखेल कार्यालयाचेर इराणीच्या हवाई कार्यावळींचें दिग्दर्शन करपाक

जापसालदार आशिल्लें मुखेल कमांड-एण्ड-कंट्रोल केंद्र अशें वर्णन करून इझ्राएल संरक्षण दळान सांगलें. दुसरे वटेन साउदी अरेबियाच्या संरक्षण मंत्रालयान ,  शायबा तेल क्षेत्राक लक्ष्य करून ड्रोन आडायलो. बहरीनांत आयज सकाळीं दुसरे खेपे शिटकावणी दिवपी सायरन वाजले. आंतराश्ट्रीय मंत्रालयान थंयच्या रहिवाशांनी लागींच्या सुरक्षीत सुवातींनी वचपाचो उलो मारला. मजगतीं, आखातांतल्या जायत्या शारांचेर इराणी बॉम्बस्फोट जाले कर्नाक लागून प्रादेशिक संघर्शांत खर वाड जाल्ल्यान ऑस्ट्रेलियेन संयुक्त अरब अमीरातांतल्या आपल्या राजनयिक कर्मचाऱ्यांच्या कुटुंबांक देश सोडपाक सांगलां.

Mumbai  116

आंतरराष्ट्रीय वृक्षसंवर्धन परिशदेची दुसरी आवृत्ती, वृक्षवर्धन-2026 , वाडपी शारां,  कॅनॉपीज ह्या विशयाचेर मुंबयंत जाली. आधुनीक वृक्षसंवर्धनांतल्यान आमी झाडां क्लिनीक स्थापन करतले, नगरपालिका वाठारां भितर झाडां खातीर निधी आनी धोरण आसपावीत करतले, झाडां साहित्य आनी झाडांचो उत्सव मनयतले अशें महाराष्ट्राचे म्हायती तंत्रज्ञान आनी संस्कृताय मंत्री dr आशीष शेलर हांणी सांगलें. शेलारान शास्त्रीय झाडां संवर्धनाक चालना दिवपाची गरज आसा आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचो ‘एक पेड मा के नाम’ हो संदेश दरेका घरांत आनी दरेक व्यक्ती मेरेन पावोवपाची गरज आसा.

Sports  24

काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले निमाणे मॅचींत न्यूझीलंडाक 96 धांवड्यांनी हारोवन  भारतीय पंगड   तिसरे खेपे आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वकरंड सर्तींत जैतिवंत जाले

Imd 87

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, बिहार, सिक्किम आनी ओडिशाच्या  कांय वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपाचो  अदमास उक्तायला .